प्रादेशिक खबरो राजश्री कामत 31.05.2025 @ 7.25 am

आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी देवश्री / राजश्री कामत तुमका राष्ट्रीय / प्रादेशिक खबरो दीता.

रश्मि 100

गोंयात पोर्तुगीज राजवटीवेळार सौंधीय राजे संस्थान आनी पोर्तुगीज मदी आशिल्ले मोडी लिपीतल्या समन्वयीय पत्रवेव्हाराचे प्रदर्शन 31 मे ते 9 जुन मेरेन सकाळी 10 ते सांजेचे 5 वरामेरेन पुरात्व खात्यान पणजे कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या art gallary आयोजित केला. गोंयांत वर्स 1755 ते 18 शेकड्या मेरेन पोर्तुगीज आनी सौंधे राजवटीच्या काळातल्या पत्रवेव्हाराचे दस्तएवज ह्या प्रदर्शनात पळोवपाक मेळटा. फुडारात ह्या दस्ताएवजाचो अभ्यास , संशोधन जावन भुतकाळातल्या गोंयच्या इतिहासाक परत एकदा जाणुन घेवपाची संद ह्या प्रदर्शनाच्या माध्यमातल्यान उक्ती जाल्या अशी म्हायती गोंय पुरातत्व खात्यचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी प्रदर्शनाचे उक्तावण केल्या उपरांत दिली. प्रदर्शनावेळार गिरीश मालवणणकर लिखित सौंधे संस्थानाच्या इतिहासाची साधने ह्या पुस्तकाचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांच्या हस्तुकी प्रकाशन जाले.

DIP 70

सर्गेस्त डॉ. फ्रान्सिस्को लुईस गोम्स हांची जयंतीची कार्यावळ आज सकाळी 10.00 वरांचेर नावेली-साश्ट हांगा डॉ. फ्रान्सिस्को लुईस गोम्स ट्रस्ट मैदान, पर्पेच्युअल सुकुर कॉन्वेंट हायस्कुला सामकार आयोजीत केल्ली. पुण सतत पडपी नेटाचो पावस आनी मैदानाचेर उदक भरिल्ल्यान पुराय कार्यावळ आयोजीत करपाक अडचण जाल्या. ते खातीर हे थळार सर्गेस्त डॉ. फ्रान्सिस्को लुईस गोम्स हांच्या पुतळ्याक फकत फुलांहार घालून आर्गां ओपपाची कार्यावळ जातली आनी फुडली कार्यावळ नावेलीच्या रोझरी हायस्कुलाच्या सभाघरांत जातली, हांची मानेस्त आनी निमंत्रितांनी नोंद घेवची.

सुशांत 160

श्याम बेनेगलाचें गोंय कडेन अखंड नातें आशिल्लें. ताच्या काळजांत गोंयची आवड सदांच आशिल्ली. चित्रपट मळार ते  येसस्वीपणाच्या शिखराचेर पावले. ह्या मळार ताचें योगदान तरणाट्यां मेरेन आनी फुडल्या पिळग्यां मेरेन पावपाची गरज आसा अशें ज्ञानपीठ पुरस्कार जैतवंत आनी नामनेचे लेखक दामोदर मावजो हांणी सांगलें.  मडगावच्या रविंद्र भवनान तीन दिसां खातीर श्याम बेनेगल फिल्म महोत्सवाचे उक्तावण वेळार ते उलयताले. बेनेगल हांच्या दर्जेदार चित्रपटांक लागून सिनेमा प्रेक्षक आनी सिनेमा मोगींक ते सदांच याद उरतले अशें मावजो हाणी सांगलें. रवींद्र भवनाचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक हांणी बेनेगालाच्या फिल्म निर्मितींत तांका कशे प्रोत्साहन दिलें हाची म्हायती दिली. अंदूंच्या इफ्फी खातीर रवींद्र भवनाची तयारी सुरू जाल्या आनी रवींद्र भवनात कांय चित्रपट दाखयतले अशें तांणी सांगले. फिल्म समीक्षक सचिन चाटे हांणी कार्यावळीचें संचालन केलें. श्याम बेनेगल हांचो त्रिकाल हो चित्रपट सादर जालो . आज सरदारी बेगम फिल्म दाखयतले. उपरांत संगीत दिग्दर्शक अशोक पत्की आनी गायिका आरती अंकलीकर टीकेकर हांचे कडे प्रेक्षकांक संवाद सादपाची संद मेळटली. फालया दिसा मम्मो फिल्म दाखयतले. ह्या वेळार अभिनेता  रजित कपूर हाजीर आसतले.

महेश 45

आमच्या आयकुपयांक हे खास ..  आकाशवाणीन सुरु केला *योग साधना मथाळ्या वेली ही विशेष मालिका..आज का आसन*तुमची सकाळ गोल्ड सुप्रभात वरवीं सुरू करात.  योग साधना - आज का आसन, ही कार्यावळ ट्युन इन करात. FM Gold 100.1 मेगाहड्साचेर.सकाळीं सात जावन धा मिनटांचेर. तुमच्या भलायकेचो हो आसतलो दिसपट्टो डोस.

महेश 230

कला आणि संस्कृती संचालनालया वतीन आयोजित मासिक 'प्रयोग सांज' या कलाविषयक उपक्रमाक या वर्सा 13 वर्सा पुराय जातात. त्या निमित्त आज खासा कार्यावळीचे आयोजन केला. सांजे 5.क या वर्सपूर्तीच्या कार्यक्रमाचे उक्तावण जातले यावेळार आज मेरेन प्रयोग सांज उपक्रमात रंगाकृती सादर केल्या दिग्दर्शकांचो भौमान करतले. सांजेच्या 5.30 क फामार मराठी रंगकर्मी अभिराम भडकमकर यांचे "संहिता लेखन ते सादरीकरण" या विषयार व्याख्यान जातले. ह्या खासा व्याख्यानाक लागुन गोमंतकीय नाट्यरसिकांक अभिराम भडकमकर या ज्येष्ठ रंगकर्मिचे विचार आयकुपाची मोलादीक संध मेळतली. ते उपरांत 6.30 क अभिव्यक्ति, पणजी या संस्थे वतीन 'अज्ञात कथा' या रंगाकृतीची प्रस्तुती आसतली पाटो, पणजीत संस्कृती भवन संकुलाच्या बहुउद्देशीय सभागृहात ह्यो कार्यावळी जातलयो. 'अज्ञात कथा' या संहितेचे लेखन अंतरा भिडे हाणी केला निर्मिती रचना आणि दिग्दर्शन गोवा कला अकादमीच्या नाट्य विद्यालयाचे डो साईश देशपांडे हाणी केला. गोमंतकीय नाट्यकर्मी तसेच संस्थांक माची उपलब्ध जावची तसेच नाट्यरसिकांना अभिनव प्रयोगांचो आस्वाद घेवंक मेळचो हे उद्देशान संचालनालयान मासीक प्रयोग सांज हो उपक्रम सुरु केला. या खातीर गोयातल्या नाट्यसंस्थांक एकांकिका वा तत्सम नाट्य सादरीकरणा खातीर या खात्याचे बहुउद्देशीय सभागृह पुकट दितात. त्याप्रमाण दर महिन्याच्या निमण्या शेनवारा सांजे प्रयोग सादर जातात.या उपक्रमात आता मेरेन गोयातले वेगवेगळे रंगकर्मी आनी .संस्थांचे शंभरावयर कलात्मक प्रयोग सादर जाल्यात. तसेच 'अज्ञात कथा' प्रयोगा उपरांत रसिकांक त्या प्रयोगातल्या कलाकार आणि तंत्रज्ञांकडे थेट संवाद साधुक मेळटलो. नाट्यरसिकांनी या व्याख्यानाचो आनी प्रयोगाचोआस्वाद घेवचो तसेच गोयातल्यो हेर नाट्यसंस्था वा रंगकर्मीनीय 'प्रयोगसांज' उपक्रमात आपल्यो कलानिर्मीती सादर करपाक खात्याकडे संपर्क साधचो अशे आवाहन कला आणि संस्कृती संचालनालयान केला

हवामान 35

गोंयत नैऋत्य पावस नेटान हजेरी लायतलो. राज्यांत चडशा सुवातींनी हलको ते मध्यम पावस पडलो आनी कांय सुवातींनी दडकानी  पावस पडतलो.• सगळ्यांत चड चडांत चड तापमान दाबोली हांगा 29.4° सेल्सियस तर मुरगावत उण्यांत उणें तापमान 26.0° सेल्सियस नोंद जालें

आणि इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो. आमचयो मुखवेलयो  प्रादेशिक खबरो आयकात सांजेच्या 7.20 मिनिटांचेर. नमस्कार